# <u>गोंय क्रांतीदिसा स्वातंत्र्य सैनिकांखातीर कदंब बसीची वेवस्था</u>

ता. 14 जून 2024

गृह खात्यान मंगळार ता. 18 जून 2024 दिसा स्वातंत्र्य सैनिकांक आग्वाद किल्लो आनी आझाद भवन, पर्वरी हांगा जावपी क्रांती दीस कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाक मेळचे म्हूण कदंब बसीची वेवस्था केल्या. स्वातंत्र्य सैनिकांक आग्वाद किल्ल्याकडेन घेवन वचपा खातीर जीए-03 एक्स-0609 ह्या क्रमाकाची कदंब बस (बस ड्रायव्हर श्री. प्रसाद सोळंकी- मो. नं. 9373650383) पणजी फेरी धक्क्याकडेन पार्क केल्ली आसतली.

पणजेच्या आझाद मैदानावयलो मुखेल कार्यक्रम सोपले उपरांत पणजी फेरी धक्क्याकडेन पार्क केल्ली कदंबा बस स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन आग्वाद किल्ल्याकडेन वतली आनी आग्वाद किल्ल्या वयलो कार्यक्रम जाले उपरांत बस स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन पर्वरी आझाद भवनाकडेन वतली. आझाद भवनातल्या कार्यक्रमा उपरांत कदंबा बस स्वातंत्र्य सैनिकांक तांच्या घरा वचपा खातीर पणजेच्या कदंब बस स्टॅण्डार घेवन येतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/262

--

-------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.